**समाजकल्याण मंत्र्यान सत्तरी तालुका जनता दरबारात लोकांची गारांणी आयकुन घेतली**

ता. 9 ऑक्टोबर 2023

उत्तर गोंय जिल्हाधिकारी कार्यालयान आयज सत्तरी तालुक्याखातीर वाळपय नगरपालिका सभाघरात आयोजीत जनता दरबारात समाजकल्याण मंत्री श्री सुभाष फळदेसाय हांणी लोकांच्यो समस्यां जाणून घेवन संबंदीत अधिकाऱ्यांक त्यो सोडोवपाचो आदेश दिलो.

पर्येच्यो आमदार डॉ. देविया राणे हांचीय जनता दरबाराक उपस्थिती आशिल्ली.

जनता दरबारात उलयताना समाजकल्याण मंत्री श्री सुभाष फळदेसाय हांणी दिव्यांगांखातीर स्वतंत्र विभाग सुरू करपाची घोशणा केली आनी फुडल्या पर्पल फेस्ट उत्सवात खेळां सर्तीचो आस्पाव करपात येतलो, अशें सांगलें. मंत्री फळदेसाय हांणी समाजकल्याण खात्याच्यो येवजणो राज्यांतल्या लावधारकांमेरेन पावोवपाक आपले प्रयत्न आशिल्ल्याचें सांगलें. तशेंच तांणी पुरातत्व खात्यावतीन मावशी हांगाचे रॉक आर्ट, नाणुस किल्लो आनी दिपाजी राणे हांच्या घराचे सुशोभीकरण करपाची येवजण आशिल्ल्याची म्हायती दिली.

सरकारान पुराभिलेख दस्तावेजांचे डिजिटायजेशन करपाचे काम सुरू केल्ल्याचे सांगून सुमार 3 कोटी पानांचे डिजिटायजेशन 1 ते 2 वर्सांनी पूराय जातले, अशें सांगलें.

आमदार डॉ. देविया राणे हांणी लोकांच्यो समस्या सोडवपाक आनी तांचे जीवनमान सुदारपाक सरकारचे प्रयत्न आशिल्ल्याचें सांगलें. समाज कल्याण खात्याच्यो येवजणो लोकांमेरेन पावोवपाखातीर केल्ल्या प्रयत्ना खातीर डॉ. राणे हांणी समाज कल्याण मंत्र्याची तोखणाय केली. लोकांच्या समस्यांचे निराकरण करपाखातीर जनता दरबार हे एक बरे व्यासपीठ आशिल्ल्याचेय आमदारान सांगलें.

ह्या वेळार पुराभिलेख खात्याचे संचालक श्री रोहित कदम, पुरातत्व खात्याचे संचालक श्री निलेश फळदेसाय, समाज कल्याण संचालक श्री अजित पंचवाडकर, उपजिल्हाधिकारी श्री प्रवीण परब, मामलेदार श्री दशरथ गावस, अतिरिक्त जिल्हाधिकारी श्री पुंडलिक खोरजुवेंकर, जि.पं. सदस्या श्रीमती देवयानी गावस, श्री सगुण वाडकर, श्रीमती राजश्री काळे, नगराध्यक्षा श्रीमती शहझिन शेख, गोंय वैजकीय म्हाविद्यालयाचे वैजकीय अधीक्षक डॉ. राजेश पाटील, श्री विनोद शिंदे, सरपंच, पंच आनी सरकारी अधिकारी उपस्थित आशिल्लें.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/786

--

------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity
Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan, Panaji – Goa.